## वस्तुस्थिती जाणून घेवपा खातीर  अधिकाऱ्यांची कमला नाईक हांच्या घराक भेट

ता. 13 नोव्हेंबर 2025

आधार कार्ड, दिव्यांग प्रमाणपत्र, दयानंद सामाजिक सुरक्षा वळखपत्र वा घर नाशिल्ले बाबतीत एका दिव्यांग बायले  विशीं खबरांपत्रांनी शापून आयिल्ल्या बातमी उपरांत संबंदीत अधिकाऱ्यांनी वस्तुस्थिती जाणून घेवपा खातीर श्रीमती कमला वसंत नाईक उर्फ कमलावा मलप्पा मेगेरी हांच्या घराक भेट दिली. ती  घर क्रमांक 1141, सेगुंद बायरो, कलापूर, सांताक्रूझ, तिसवाडी हांगा रावतात.

आयज अधिकाऱ्यांनी तीच्या घराक दिल्ल्या  भेटीवेळार श्रीमती कमला हांचेकडेन आधार कार्ड आशिल्ल्याचे दिसून आयले,  पुण आधार नंबर सक्रिय मोबायल नंबराक लिंक केल्लो नाशिल्लो.   अधिकाऱ्यांनी पोर्टेबल डिव्हाइस वापरून बायोमेट्रिक पडताळणी वरवीं वैध मोबायल नंबराक लिंक करून आधार अपडेट करपाक तीका मजत केली.

श्रीमती कमला नाईक हांचेकडेन समाज कल्याण संचालनालयान जारी केल्ले  ज्येशठ नागरिक बायोमेट्रिक कार्ड, अन्न आनी नागरी पुरवण खात्याचे रेशन कार्ड, मतदार वळखपत्र आसा.  तशेंच  बीएलओन तीचो एसआयआर तपशील प्राप्त केल्लो आसा.  तीचे कॅनरा बँकेत खाते आसा, जे बायोमेट्रिक पडताळणी वरवीं परत सक्रिय करपाची गरज आसा.

स्वयंपूर्ण मित्र, पंचायत सचीव, थळावो बीएलओ, समाज कल्याण अधिकारी, अन्न आनी नागरी पुरवण अधिकारी, कॅनरा बँकेचे अधिकारी, ड्रॅग चे अध्यक्ष हे श्रीमती कमला हांच्या घराक दिल्ल्या भेटी वेळार उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/    / विगां/ 2025/875

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.